**दिव्यांग व्यक्तिंक खास (युनिक) वळखपत्रा खातीर अर्ज करपा बाबतीत कळोवणी**

ता. 30 नोव्हेंबर 2021

दिव्यांग व्यक्तिंच्या सशक्तीकरणा खातीर केंद्र सरकार आनी राज्य सरकारा वतीन राबोवपात येवपी विंगड विंगड येवजणांचो दिव्यांग व्यक्तिंक लाव घेवपा खातीर केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालयाच्या दिव्यांग सशक्तीकरण विभागान दिव्यांग व्यक्तिंक दिव्यांग प्रमाणपत्र आनी खास (युनिक) दिव्यांग वळखपत्र जारी करपा खातीर प्रकल्प सुरू केला.

गोंय राज्यांत समाज कल्याण खात्या वतीन दिव्यांग व्यक्तिंक खाशेले दिव्यांग वळखपत्र जारी करताले, पुण आता भारत सरकारान दिव्यांग व्यक्तिंक दिव्यांग प्रमाणपत्र आनी खास (युनिक) दिव्यांग वळखपत्र जारी करपा खातीर प्रकल्प सुरू केल्ल्यान समाज कल्याण खात्या वतीन दिव्यांग व्यक्तिंक वळखपत्र जारी करपाचे बंद करपाचो निर्णय घेतला.

त्याखातीर सगळ्या दिव्यांग व्यक्तिंनी http://www.swavlambancard.gov.in/pwd/application ह्या लिंकाचेर भेट दिवन खास (युनिक) दिव्यांग वळखपत्रा खातीर नोंदणी करची, अशें कळीत केला. ह्या पोर्टलाचेर नोंदणी केल्या उपरांत अर्जदाराक फुडल्या संदर्भा खातीर नोंदणी क्रमांकासयत पावती मेळटली.

चड म्हायती खातीर दिव्यांग व्यक्ति सशक्तिकरण विभाग, 0832-2232257, 2223784, 9325193655 फॅक्स. नं. (0832-2228172) वा socialwelfaregoa@rediffmail.com / statecoordinatorgoa@gmail.com चेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/999

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji